**राज्यपालांची दिलासा सांबाळ केंद्राक भेट**

ता. 07 जानेवारी 2022

गोंयचें राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी काल फर्मागुडी फोंडेच्या "दिलासा" डॉ. रजनिकांत एस. एस. उजगांवकर सांबाळ केंद्राक भेट दिवन संस्थेक अर्थीक मदत भेटयली.

राज्यपालान सांबाळ केंद्राच्या सेवेची तोखणाय करून मानव सेवा हीच ईश्वर सेवा आशिल्ल्याचे म्हणलें आनी प्रत्येकान अशी सेवा करून गरीब आनी गरजू लोकांक मदत करपाची गरज उक्तायली.

ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले आमदार श्री. रामकृष्ण ढवळीकर हांणी समाजातल्या गरजू लोकांक मदत करपा खातीर दिलासा सांबाळ केंद्रावतीन करपात येवपी सेवेची तशेंच राज्यपालान कल्याणकारी संस्थांक अर्थीक मदत करपा खातीर सुरू केल्ल्या येवजणेची तुस्त केली.

आयएमए फोंडा चॅरीटेबल ट्रस्टचे अध्यक्ष डॉ. रूफिनो मोन्तरो, बांदोडाचे सरपंच राजेश नाईक, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री. प्रशात शिरोडकर, आयएमए फोंडाचे सचीव श्री. एरोन सुवारिस ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

श्रीमती गौतमी हेदे हांणी स्तवन सादर केले. डॉ. वल्लभ धायमोडकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/30

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji